**शाळा/शिक्षणीक संस्थांच्या वांठारांत सोरो/तंबाकू उत्पादनां विकतल्यांचेर कारवाय जातली**

ता. 25 फेब्रुवारी  2022

शाळा/शिक्षणीक संस्थां आनी भुरग्यांच्या कोचिंग सेंटरांच्या सरभोवतणच्या शंबर मीटर वांठारांत सोरो, विडी/शिगार, गुटखा आनी हेर तंबाकू उत्पादनां विकपाक कायदेशीर बंदी आसून गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोगान शाळा/शिक्षणीक संस्थांच्या वांठारांत सोरो/तंबाकू उत्पादनां विकपाचो वेव्हार  चलता आसत जाल्यार लोकांनी अशा वेव्हाराची म्हायती संबंदीत बाल कल्याण पुलीस अधिकारी वा पुलीस निरीक्षकाक दिवपाची विनंती केल्या. तशेंच 917030941330 ह्या व्हॉटसॅप नंबरावयल्यान आयोगाकडेन कागाळ करपाक शकतात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/142

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji